**Panaji national**

**29.04.2026 at 6.30 pm**

उत्तर प्रदेशांतल्या हरदोई जिल्ह्यांत, 12 जिल्ह्यांतल्यान वचपी मेरठ आनी प्रयागराज हांकां जोडपी, 594 किमी लांब गंगा एक्सप्रेस मार्गाचे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी उक्तावण केलें. जशी गंगा, हजारांनी वर्सां उत्तर प्रदेशा खातीर जिवन रेखा जावन आसा, तेच प्रमाण हो एक्सप्रेस मार्ग्रूय ह्या राज्याच्या उदरगतीची नवी जिवीत रेखा जातलो. आयज देशांत सगळ्यांत चड एक्सप्रेसवे आशिल्लें राज्य उत्तर प्रदेश जालां. उच्च गतीच्या ह्या मार्गाक लागून उत्तर प्रदेशांत जोडणी बऱ्याच प्रमाणात वाडटली, तेच बरोबर उद्देगीक गुंतवणूक, रसद, शेतकी विपणन आनी प्रादेशिक समतोलाक चालना मेळटली अशी अपेक्षा आसा अशे ह्या उक्तावनावेळार भरिल्लें सभेमुखार उलोवप करताना मोदी हानी म्हळें.

प्रधानमंत्रीच्या कल्पने खाला राज्यांतली प्रगत मुळावी बांदावळ उदरगतीक चालना दिता , अशें गंगा एक्सप्रेस मार्गाचे उक्तावण सुवाळ्यांत उलयतना उत्तर प्रदेशाचे मुख्यमंत्री योगी आदित्यनाथ हांणी सांगलें, ह्या प्रकल्पाक उत्तर प्रदेशाचे अर्थवेवस्थेचो फाटीचो कणो अशें वर्णन करतना ,एक्सप्रेसवे उद्देगीक वाड, पर्यटन आनी रोजगारा खातीर नवे मार्ग उक्ते करतले अशें योगी आदित्यनाथ हांणी मुखार म्हळें

मे म्हयन्याच्या 1 ते 15 तारखे मेरेन जावपी भौशीक प्रदर्शना खातीर भगवान बुध्दाचे पवित्र अवशेश लद्दाखांत पावले. लद्दाखचे लेफ्टनंट गव्हर्नर विनय कुमार सक्सेना हांणी वरिश्ठ अधिकारी आनी सुरक्षा दळां वांगडा वायुसेनेच्या विमानतळार हे अवशेश येवकार दिवन स्वीकारले

अस्तंत बंगालांत विधानसभा वेंचणुकेच्या दुसऱ्या आनी निमाण्या टप्प्या खातीर आयज मतदान जाले. ह्या टप्प्यांत सात जिल्ह्यांतल्या वट्ट 142 मतदारसंघांनी वेंचणूक जाली. शांततायेन मतदान सुनिश्चीत करपा खातीर फावो ती सुरक्षा वेवस्था सज्ज आशिल्ली. अस्तंत बंगाल, तमिळनाडू, आसाम, केरळ आनी पुडुचेरी विधानसभा वेंचणुकेच्या मतांची मेजणी मे म्हयन्याच्या चार तारखेक जातली. कर्नाटकांतल्या बागलकोट आनी दवनागेरे (Davanagere) दक्षिण, नागालँडांतल्या कोरीडांग, त्रिपुरांतल्या धर्मनगर, महाराष्ट्रांतल्या बारामती आनी राहुरी आनी गुजरातांतल्या उमरेठ हांचे खातीर विधानसभा पोटवेंचणुकेच्या मतांची मेजणी 4 मे जातली.

जैव इंधन वापर वाडोवपा खातीर आनी उत्सर्जन नेमांक प्रमाणीत करपा खातीर इंधन वर्गीकरणांत सुदारणा करपी कें‌द्रीय मोटार वाहन नेमाची रुपरेखा दिवपी अधिसुचोवण्यो सरकारान जारी केल्या . कें‌द्रीय मोटार वाहन नेम, 1989 त प्रस्तावीत दुरुस्त्यो सांगपी अधिसुचोवणे प्रमाण, सरकारान उत्सर्जन आनी प्रकार-मंजुरी मानकां खाला तंत्रीक इंधन वर्गीकरणांचो मसुदो प्रस्तावीत केला, जो चड इथेनॉल आनी जैव इंधन मिश्रण लक्ष्यां प्रमाण आसा. ह्या मसुद्यांत जायत्या मुखेल बदलांची रुपरेखा दिल्या.

उटानगराचो पाऊस आणि नेटान येवपी वाऱ्याक लागून मिझोरामांत आयझोल, सेरछिप, (Aizwall, Serchhip) आनी दक्षिण मिझोरामाच्या लुंगलेई (Lunglei) जिल्ह्यांतल्यो शाळा आयज सलग दुसर् या दिसा बंद उरल्यात. भूंयकांप, हुंवार, आनी हवामान संबंदीत हेर धोक्यांक लागून जतनाय घेवपा खातीर अधिकार् यांनी शाळा बंद करपाचो आदेश दिला.

भारत हवामान खात्यान फुडल्या म्हयन्याच्या 2 तारखे मेरेन ओडिशा, उत्तर तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल आनी दक्षिण दर्यादेगेवेल्या आंध्र प्रदेश यानम ह्या वाठारांनी उश्ण आनी दमटसणीच्या हवामानाची हवामानाचो अदमास काडला. फाल्यां मेरेन देशाच्या वायव्य वाठारांन चडांत चड तापमान 2 ते 4 डिग्री सेल्सियस ल्हव ल्हव देंवतले अशें हवामान खात्यान सांगलां.

आयपीएल क्रिकेटांत मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमांत मुंबय इंडियन्स आनी सनरायझर्स हैदराबाद हांचे मदीं खेळ जातलो. सांजवेळा 07.30 वरांचेर मॅच सुरू जातली. काल रातीं न्यू चंडीगढांत राजस्थान रॉयल्सान पंजाब किंग्साक 6 विकेटींनी हारयलो.

ही आसा एक कळोवणी

आकाशवाणी पणजी केंद्राचा खबरा विभागा वरवी 'खबरा वाचक तशेंच अणकारक पदाखातीर कराराचेर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. उमेदवार पदवीधर आसप गरजेचें. पिराय 21ते 50 वर्सां मजगतीं आसची. अर्ज करपाची निमणी तारीख 17 मे २०२६ आसा. कोंकणी भाशेचें गिन्यान, तशेंच इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी-इंग्लीश अणकार करपाचें कसब आसचें. प्रसारणाखातीर आवाज योग्य आसपाक जाय. इत्सूक उमेदवारांनी आपलो अर्ज 'हेड ऑफ आर एन यू, आकाशवाणी पणजी, आल्तिन्हो, पणजी, गोवा - 403001 हांगा सादर करचो. अधिक म्हायती खातीर 7020672710 ह्या क्रमांकाचेर वा rnuairpanaji[at]gmail[dot]com ह्या ई-मेलाचेर संपर्क करचो.